4th April 2026 7.25am

आकाशवाणी पणजीच्या, प्रादेशिक खबरा

मिराबाग- सांवड्डेंचो प्रस्तावीत बंधारो रद्द -

मिराबाग-सांवड्डेंचो प्रस्तावीत बंधारो प्रकल्प अधिकृतपणान रद्द जाला. हो प्रकल्प रद्द करपाचो औपचारीक आदेश निदर्शकांक आनी थळाव्या लोकांक, सरकारा कडल्यान मेळ्ळा. निदर्शक, थळावे आनी निशेधाक तेंको दिवपी सगळ्यांनी सरकाराच्या ह्या निर्णयाक येवकार दिला. ह्या पुराय निशेधाक एकवटीतपणान तेंको दिवपी नागरिकांचे तशेंच मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांचेय उपकार मानल्यात. फाटल्या देड म्हयन्या सावन थळावे लोक, मिराबाग हांगाचो प्रस्तावीत बंधारो प्रकल्प रद्द करपा खातीर निशेध करताले. ह्या निशेधांत थळावे, पर्यावरणवादी आनी वेगवेगळ्या समाजीक संघटणांनी सक्रीयपणान वांटो घेतिल्लो. अधिवेशनात लेगीत हो विशय आयील्लो.

Desk -

चैत्र उत्सवाच्या निमाण्या दिसा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी विठ्ठलापूर सांखळेतल्या विठ्ठल मंदिराक भेट दिवन 'अंतर्गत गोंय' प्रचारांत, मंदिर पर्यटनाचे म्हत्व उक्तायलें. आतां गोंयच्या दर्यादेगांकच न्हय तर गिरेस्त सांस्कृतीक दायज आनी भव्य देवळांकडेन पर्यटक आकर्शीत जातात, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगले.

Subhash Jan -

फोंडा विधानसभा पोट वेंचणूकेंचो प्रचार आता नेट घेवंक लागला. भाजपाचे उमेदवार रितेश नाईक काँग्रेसीचे उमेदवार केतन भाटीकार आनी आप पक्षाचे उमेदवार गीतेश नाईक हांचेमदी, ही तिरंगी लडत जातली. मतदान ९ एप्रिलाक जातले. ७ एप्रिलाक जाहीर प्रचार सोंपतलो. सद्या सगळे उमेदवार घराघरांनी वचून, प्रचार करपाचेर भर दितात. मजगती, सरकारान फोंडा विधानसभा पोट वेंचणूकेंखातीर ९ एप्रिलाक, मतदारांक भर पगारी सुटी जाहीर केल्या. मतदानांचो हक्क आशिल्ल्या सगळ्या पात्र मतदारांक, हाचो लाव मेळटलो.

Rashmi -

शिरगांव लईराई देवीच्या जात्रेक पोरू जाल्ल्या खेटाखेटी उपरांत, आतां शिरगांव लयराई देवी जात्रेचेर, सीसीटीव्ही वरवीं नदर दवरतले आनी अपघात जावचे न्हय म्हूण सुरक्षेची जतनाय घेतले. जात्रा सुटसुटीत आनी सुरक्षीतपणान चलोवपा खातीर, जायत्या खात्यांतल्या अधिकाऱ्यांचो आस्पाव आशिल्लो खाशेलो पंगड तयार केला. जिल्लोधिकाऱ्यांनी जात्रे दिसा, गर्दीचेर नियंत्रण दवरपा खातीर आनी उत्सव बरे भशेन जावचो या खातीर, कांय मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत. हे नेम खरपणान पाळचे, अशें आवाहन जात्रेक येवपी भाविकांक केला. अंदूं शिरगांवची लयराई देवीची होमखण जात्रा, २१ एप्रीलाक जातली. हे जात्रेक सगल्या भाविकांक देवळांत प्रवेश दितले. ह्या दिसा व्हडली गर्दी अपेक्षीत आसा. हाका लागून सगल्या भाविकांनी आनी धोंडांनी शिस्त पाळून, प्रशासनाक सहकार्य करचें, असो उलो देवळाचे अध्यक्ष दीनानाथ गांवकार हांणी मारला.

DD -

शार उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे हांणी हाउसिंग बोर्ड, बोर्डे हांगा दिवचलच्या पयल्या फुटसाल मैदानाचें उक्तावण केलें. ह्यावेळार ताणी थळावो रोजगार निर्माण करपी आनी मुळावी बांदावळ सुदारपी प्रकल्पांची गरज उक्तायली. आमदार चंद्रकांत शेटये ह्या कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले

'संपन्न' -

केंद्र सरकारान गोंय राज्य सरकार आनी कोचीन बंदर प्राधिकरण हांचे कडेन 'संपन्न' 'प्लॅटफॉर्म-अॅज-ए-सर्व्हिस' दिवपा खातीर कबलात केल्या. 'संपन्न' सॉफ्टवेरावरवीं दूरसंचार खात्यान, गोंय सरकार आनी कोचीन बंदर प्राधिकरण हांचे वांगडा भागीदारी करून 'सेवा तुमच्या दारांत' ही संकल्पना हेर संघटनां मेरेन पावयल्याचे केंद्रीय मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधीया हाणी सांगला. 'संपन्न' ही प्रधानमंत्री डिजिटल इंडिया मिशनाच्या दृश्टीकोना प्रमाण, विकसीत केल्ली वेगान चलपी, ऑनलायन पेन्शन वेवस्थापन पद्दत आसा.

Subhash Jan -

राज्यातल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांनी 'उद्देगांखातीर उदक ' ह्या मध्यवर्ती संकल्पनेचेर, 'उदक वाटयात आनी उदका स्रोतांचो सांबाळ करात' हो संदेश पाताळावपी कार्यावळी आयोजीत करच्यो, अशें गोवा समग्र शिक्षा अभियानाचे प्रकल्प संचालक मनोज सावईकर हांणी मांगलां. २२ मार्च हो संवसारीक उदक दीस म्हूण मनयतात. त्या दिसा सावन आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींचो अहवाल लेगीत, फोटो सयत गोवा समग्र कार्यालयाक सादर करचो, अशे ह्या विशींच्या मार्गदर्शक परिपत्रकात म्हळां.

खेळ -

गोंय क्रिकेट असोसिएशनान आयोजीत केल्ले गोंय प्रिमीयर डिव्हिजन लीग सर्तीतले तिसरे फेरयेंतल्यो, उरिल्ल्यो दोनूय मॅची ड्रॉ जाल्यो, पूण, पयल्या डावांत घेतिल्ल्या आघाडीच्या नेटार, साळगांवकार क्रिकेट क्लब आनी जीनो स्पोर्ट्स क्लब हांणी मॅची गाजयल्यो.

वेदर - 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 34.2 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 23.8 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार